**गोवा कोंकणी अकादेमी**

**पणजी – गोंय**

# कोंकणी संगीत कार्यावळ निर्मितीक अर्थीक आदार

**अर्जीपत्र**

1. संस्थेचें/व्यक्तीचें नांव :---------------------------
2. पुराय पत्तो :---------------------------

:---------------------------

फ़ोन नं.--------- मो.नं.-----------

3. संस्था नोंदणी नं. (आसा जाल्यार ) :-----------------------
4. संगीत कार्यावळीचें नांव :---------------------------

---------------------------

5. कार्यावळीचें स्वरूप :---------------------------

---------------------------

---------------------------

6. कार्यावळीचें खाशेलेंपण :---------------------------

---------------------------

( सकयली म्हायती कार्यावळ सादर जावंच्या उणेच आठ दिसा आदीं अकादेमीक सादर

करची, गरज भासल्यार ती वेगळया पानार बरोवची.)

7. संगीतकार :---------------------------
8. गायक : 1) ---------------------- 2) -----------------

3) ---------------------- 4) -----------------

9. वादक : स :1) ---------------------- 2) -----------------

3) ---------------------- 4) -----------------

10. कार्यावळ निर्मितीचो काळ :---------------------------
11. कार्यावळ सादरीकरणाचो अवधी :---------------------------
12. कार्यावळ निर्मिती आनी पयल्या सादरीकरणाचोखर्च :------------------------

( वेगळो तपशील दिवचो )

हांवें हे येवजणेचें नेम वाचल्यांत. ते म्हाका मान्य आसात.

तरीख :----------

अर्जीपत्र पावपाची निमणी तारीख- 5|10|2023

----------

सय

नांव :-------------

( संस्थेचो शिक्को )

## गोवा कोंकणी अकादेमी
## पणजी – गोंय
## कोंकणी संगीत कार्यावळ निर्मितीखातीर अर्थीक आदार

**येवजणेचे वर्स** :- 2023-2024

**येवजणेचो उद्देस** :- कोंकणी संगीत निर्मितीक अर्थीक पालव दिवन उत्तेजन दिवप.

**येवजणेचें नेम :**

1. दर अर्थीक वर्सा, वर्तमानपत्रांतल्यान जाहीरपणान, हे येवजणेखाला अर्ज मागयतले. हे प्रस्ताव कोंकणी लोकसंगीत, अभिजात आनी आधुनीक संगीत निर्मितीखातीर आसतले.
2. प्रस्ताव संगीत मळार वावर करपी संस्था, तशेंच संगीतकार, गायक हांणी धाडपाक जाता.
3. ह्या प्रस्तावांत संगीत कार्यावळ निर्मितीचो पुराय तपशील दिवचो पडटलो. तातूंत गितकारांची नांवां, संगीतकार, गायक, वाद्यवृंद हांची नांवां तशेंच कार्यावळीचें स्वरूप आनी खाशेलेपण, तेखातीर लागपी खर्च आदिंचो आस्पाव आसचो पडटलो.
4. अकादेमीकडेन आयिल्ल्या प्रस्तावांची पारखणी करून, अकादेमीन नेमिल्ली संगीत तज्ञांची समिती योग्य अर्जांची निवड करतली.
5. अकादेमीन संगीत विभागाखाला केल्ली अर्थीक तरतूद, कार्यावळ निर्मितीचो आटाप, दर्जो, अणभव आनी हेर संबंदीत बाबींचो विचार करून प्रस्तावाचो आंकडो आनी रक्कम तज्ञाची समिती थारायतली.

6\. i) मंजूर जाल्लो अर्थीक आदार कार्यावळ निर्मितीखातीर आनी कार्यावळीच्या पयल्या प्रयोगापुरतो आसतलो.

ii) पयल्या प्रयोगाक अकादेमीचेवतीन निरीक्षक हजर रावतलो आनी निरिक्षकाच्या अहवालाप्रमाण मंजूर जाल्ले रक्कमेंत गरज पडल्यार फ़ेर बदल करुन दिवप जातलें.

iii) पयल्या प्रयोगाची तारीख, वेळ आनी थळ अकादेमीक कमीत कमी आठ दीस आदीं कळींत करचें पडटलें.

7\. अकादेमीच्या अर्थीक आदार प्रस्तावधारकाक दुसरेकडसून अर्थीक आदार वा हेर तरेचो आदार घेवपाची मेकळीक आसतली. असो अर्थीक आदार घेतल्यार मात ताचो तपशील अकादेमीक कळोवचो पडटलो. अकादेमीक कळयनासतना हेरकडच्यान अर्थीक आदार घेतिल्ल्याचे सिध्द जाल्यार अकादेमी आपलो अर्थीक आदार स्थगीत करतली.

8. कार्यावळ निर्मितीचो काळ, तालमिची सुवात, मार्गदर्शक, प्रशिक्षक, ताचो खर्च हाचो सविस्तर तपशील अकादेमीक सादर सकरचो पडटलो.

9. हे येवजणेखाला, सादर केल्ले प्रत्येक कार्यावळींत **'हें कार्यावळीचे निर्मितीखातीर गोवा कोंकणी अकदेमीचो अर्थीक पालव लाबला'** असो ठळकपणान उल्लेख/घोषणा करची पडटली.

10. पयल्या प्रयोगा उपरांत पुराय खर्चाची प्रमाणीत बिलां, कमीत ते पांच फोटो, वर्तमानपत्रांतलीं खबरांची/नियाळाची कात्रणां आनी हेर गरजेची म्हायती सादर करतकच अकादेमीकडल्यान अर्थीक आदाराची रक्कम मेळटली.

11. कार्यावळ निर्मितीत वेवसायिक कलाकार हाडपाक सक्त मनाय आसा. तशें सिध्द जाल्यार मान्य जाल्लो अर्थीक पालव दिवपाचे अकादेमी फेर विचार करतली.

12. संगीताची ही कार्यावळ फक्त कोंकणी भाशेतल्या संगीता पुरतीच मर्यादीत आसा. हें कार्यावळीत हेर भासांतल्या संगिताची सरभरस करुंक मेळचीना.

13. संगीत कार्यावळीची निर्मीती जाले उपरांत अकादेमीक वा खंयचेय संस्थेक प्रयोगाची गरज पडली जाल्यार संस्थेन तेवेळार तो प्रयोग करचो पडटलो.

14. वयल्या नेमांत कसलोय बदल करपाचो आधिकार अकादेमी राखून दवरतां.

15. अकादेमीन वेंचून काडिल्ल्या दरेकी संस्थेक संगीताची कार्यावळ सादर करपाक रु. 40,000/- ( रुपया चाळीस हजार फक्त ) प्रतेकी दितली.

--------------------------------